# प्रादेशिक खबरो

३०.११.२०२५ @ ७.२० pm

एमआरओ सुविधेचे उत्तावण, आयएनएस माहेचो भारतीय नौदलात समावेश, देशात स्कायरूटच्या इन्फिनिटी कॅम्पसचे अनावरण व्होकल फॉर लोकल' मंत्र मुखार व्हरप ,गोंयचे गिरेस्त नौदल,गोयात जाल्या आयरनमन 70.3 गोवा 2025 सर्त अशा कित्लेशाच गजालीचेर प्रधान मंत्री नरेंद मोदि हानी मन कि बात कार्याव्लीत आपले विचार मांडले

जिल्हा पंचायत वेंचणुके खातीर भारतीय जनता पक्षान 19 उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केल्या

आता मेरेन वट्ट ९६.५ टक्के गणना फॉर्म डिजिटल केल्यात.

पोस्टकार्ड आनी पोस्ट स्टॅम्प हो एक तरेचो सांस्कृतीक दस्तावेज अशें केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणला.

MKB 260

हैदराबादात जगातलो सगळ्यात व्हड लीप इंजिन एमआरओ सुविधेचे उत्तावण, आयएनएस माहेचो भारतीय नौदलात समावेश, देशात स्कायरूटच्या इन्फिनिटी कॅम्पसचे अनावरण यासारख्या हालीच्यो घडामोडी भारताच्या नवीन विचारसरणी, नवोपक्रम आणि युवाशक्तीचे प्रतिबिंब आसात असे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हानी म्हणला. आज आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार

मांडताना मोदीनी म्हणले की, कृषी क्षेत्रात एक व्हड पांवडो गाठत भारतान ३५७ दशलक्ष टन अन्नधान्य उत्पादनाचो ईतिहासिक विक्रम प्रस्थापित केला.

सैमिक शेती विशी उलयताना प्रधान मंत्र्यांनी म्हणले

प्रधान मंत्र्यांनी गोंयच्या गिरेस्त नौदलाच्या दायजाचेर उजवाड घालो आनी भारताच्या नौदलाच्या विमान येरादारीच्या उत्क्रांतीचे दर्शन घडवपी एका अद्वितीय संग्रहालयाकडे लक्ष वेधले. गोयात घडोवन हाडील्याआयरनमन 70.3 गोवा 2025 सर्तींत सहनशक्ती, उमेद आनी जागतीक सर्त एकठांय आयली.ह्या कठीण ट्रायथलॉनांत एकतीस देशांतल्या तेराशें वयर खेळगड्यांनी वांटो घेतिलो. प्रधान मंत्र्यांनी आयरनमन सर्तीचो उल्लेख करून संवसारीक पांवड्यावेल्या खेळां सर्तींचें केंद्र म्हूण गोंयची वाडत आशिल्या नामनेची तोखणाय केली.

नोव्हेंबर महिन्यात संविधान दिसानिमित्त सेंट्रल हॉलात एक विशेष कार्यक्रम, वंदे मातरमचो १५० वो वर्धापन दिस, अयोध्येत राम मंदिरात धर्मध्वज फडकावप आणि कुरुक्षेत्रात ज्योतिसारात पंचजन्य स्मारकाचे उद्धाटन अशो खुप उर्बा मेळल्या अशे ताणी म्हळे.

मोदीनी परत एकदा लोकांक 'व्होकल फॉर लोकल' मंत्र मुखार व्हरपाचे आवाहन केले

भारतांतल्या खेळां मळार नोव्हेंबर 2025 सुपर हिट जाला अशें मोदी हांणी सांगलें.

रश्मी/गणेश 120

जिल्हा पंचायत वेंचणुके खातीर भारतीय जनता पक्षान 19 उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केल्या. हातूत उत्तर गोंयचे 13 जाल्यार दक्षिण गोंयच्या 6 मतदारसंघांच्या उमेदवारांचो आस्पाव आसा. 20 डिसेंबराक जावपी जिल्हा पंचायत वेंचणूके खातीर आचारसंहिता लागू जाल्या. सोमारसावन उमेदवारी अर्ज स्वीकारपाक सुरवात जातली. आप तशेच भाजप उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर जाल्या. काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड आनी आरजी या विरोधी पक्षांची युती जावपाची आसा. उमेदवार जाहीर जाल्यान जिल्हा पंचायत वेंचणुकेच्या प्रचारात नेट आयला. ह्या वळेरीप्रमाण सपना मापारी,सागर मावळणकार, franzila rodrigues ,अमित आमोणकार ,रेशमा बांदोडकार, संदीप साळगांवकार,रघुवीर कुंकळकार, सिद्धेश नायक,पदमाकर मळीक , सुदर नायक,नामदेव च्यारी, निलेश परवार, प्रेमनाथ दळवी, समिक्षा नायक, मोहन गांवकार, सिद्धार्थ देसाय आनी सुनिल गावस, शर्मेश भोसले, प्रितेश गांवकार, सिद्धार्थ गावस देसाय आसा अशी म्हायती भाजपाचे सरचीटणिस सिद्धार्थ कुंकळकार हांणी दील्या

रश्मी/गणेश 200

आता मेरेन वट्ट ९६.५ टक्के गणना फॉर्म डिजिटल केल्यात. वट्ट 11.85 लाख मतदारांतले 10.55 लाख गणनेचे अर्ज मेळ्ळयात; फकत 40 हजार अर्ज भरपाचे उरल्यात; अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 4 डिसेंबर जावन आसा.जाल्यार वेंचणुके वळेरीचो मसुदो 9 डिसेंबराक उजवाडाक येतलो . उपरांत अर्जदारांक 9 डिसेंबर ते 8 जानेवारी 2026 मेरेन आपले दावे आनी हरकत दाखल करपाक मेळटले अशी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हांणी आयज पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या. गणना प्रक्रियेंतल्यान जांची नांवा “अनुपस्थित”, “शिफ्ट”, “मरण आयला”, आनी “डुप्लीकेट” ह्या प्रमाण

मेळ्ळया उपरांत 9 डिसेंबराक उजवाडायल्या वेंचणूक वळेरेंतल्यान  अशा 90 हजार मतदारांचीं नांवां काडून उडयतले अशी म्हायती  संजय गोयल हांणी दील्या. आतां मेरेन 2.20 लाख मतदारांचीं नांवां 2002 वर्साच्या एसआयआर वळेरे कडेन जुळनात कारण तांच्या पालकांचीं नांवां मेळूंक नात; पूण तांचीं नांवां मसुदो वळेरेंत उजवाडायतली पूण ह्या मतदारांक पालकांक संबंदीत कागदपत्रां 2002 एसआयआर वा सीईओ कार्यालयान मागयल्ल्या प्रमाण हेर कागदपत्रां सादर करून आपलें भारतीय नागरीकत्व सिद्ध करचें पडटलें अशेय मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोएल हांणी कळीत केला.

पोस्ट 130

पोस्टकार्ड आनी पोस्ट स्टॅम्प ही एक अशी गजाल जाचे वरवीं आमचो इतिहास आनी संस्कृताय समाजांत पावता. हो एक तरेचो सांस्कृतीक दस्तावेज अशें केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणला. इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा हांगा जाल्ल्या ‘गोवापॅक्स’ पत्र प्रदर्शनाच्या समारोप सुवाळयांत ते उलयताले . ह्या वेळार टपाल खात्याचे अधिकारी, विद्यार्थी आनी पोस्टकार्ड एकठांय करपाची आवड आशिल्ले नागरिक हाजीर आशिल्ले. गोंयच्या जीआय उत्पादनांचोय प्रचार पोस्टकार्डा वरवीं जाता अशें मंत्री नायक हांणी सांगलें. अशे तरेचे कार्यक्रम गोंयची संस्कृताय पयस पयस पातळावपाक मदत करतात अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार मानेस्तांनी वेगवेगळया सर्तींनी इनामां जिखपी शाळेच्या विद्यार्थ्यांक इनामां दिली. गोंय टपाल खात्यान  जायते उपक्रम चालीक लायतात. अंदूंच्या इफ्फी महोत्सवा वेळार बूथाक भेट दिवपी नागरिकांक पोस्टाच्यो वेगवेगळयो येवजण्यो आनी सुविधां विशीं म्हायती दिली. हाचे वांगडाच वैयक्तीक शिक्के प्रसिद्ध केले ताका नागरिकांचो बरोच बरो प्रतिसाद मेळ्ळो अशें मुखेल टपाल अधिकारी अमिताभ सिंग हांणी सांगलें.

सुभाष 70

मार्गशीर्ष म्हयनो म्हळयार जात्रा काल्यांचो म्हयनो. केरी- फोंडा हांगा सरल्या श्री विजयादुर्गा देवीचो जत्रोत्सव आनी कालोत्सव धर्मिक श्रद्धेन आनी परंपरेन मनयतात. केरी- फोणेचे विजयादुर्गा देवस्थान सोळाव्या शेकड्यांत सांखवाळच्यान अंतरुज म्हालांत स्थलांतरीत जाले. मार्गशीर्ष प्रतिपदा ते नवमी मेरेन हांगा दर दिसा सांजे कीर्तन आनी मखरोत्सव जाता. आनी आयज दसमी दिसा मखर आनी सांगोड उत्सव जाता. कुळागर संस्कृतीकडेन सांगड घालपी हे सांगोडोत्सव गोंयच्या जात्राची खासीयत. सांगोड जातकच ह्या तळयाचें उदक कुळागराच्या शिंपण्यांक वापरतात.

रिजिजू 50

फाल्यां सावन सुरू जावपी संसदेच्या शिंयाळया अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका घडोवन हाडली. केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग अध्यक्षपदार आशील्ले. राज्यसभेंतले सभाघराचे फुडारी, काँग्रेस, तृणमूल काँग्रेस समाजवादी पक्ष JDU, टीडीपी आणि  शिवसेना फुडारी बसकेक हजीर आशिल्ले.

QUIZ 110

वर्सुकी झेवियर सेंटर ऑफ हिस्टोरिकल रिसर्च XCHR  गोंय इतिहास प्रस्नमाची बाराव्या आवृत्तीची फायनल शेनवारा 22 नोव्हेंबराक XCHR  हांगा जाली.गोंयांतल्या शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां मदीं इतिहासाची जागृताय वाडोवपा खातीर आनी गोंयच्या इतिहासाची खोलायेन समजूत मेळोवपा खातीर 2011 वर्सा सावन ही क्विझ आयोजीत केल्या. होली फॅमिली हायस्कुल, परवरीच्या जिखपी पंगडामदी  – लीन वाज, झेनैदा फर्नांडीस आनी लीन जॉन – हानी वैयक्तिक प्रमाणपत्र, स्मृतिचिन्ह, शाळेची ट्रॉफी आणि XCHR गोवा इतिहास प्रश्नमंजुषाची प्रतिष्ठित रोलिंग ट्रॉफीसयत ₹१०,००० चे पयले इनाम जीकले दुसरें

इनाम फादर एग्नेल मल्टीपर्पज हायस्कुल,. तिसरें इनाम मिराकल्स हायस्कुल, सांगे हांकां मेळ्ळें.

स्पोर्ट्स 20

पणजी मोर्निंग स्टार्स क्लब आणि धेंपो रॉयल्स हांचे वतीन तिसरी अखिल गोवा आंतर शालेय निमंत्रित विष्णू सिनाय धेम्पे स्मृती टेबल टेनिस सरत १४ डिसेम्बराक जातली

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९ डिग्री सेल्सिअस  नोंद जाला.